Date :08/03/2026 प्रादेशिक खबरो 7.25 am

12 खण ब्लॉकांचे लिलाव केल्या उपरांत गोंय सरकाराक 252.83 कोटी रुपया मेळळ्यात अशी म्हायती मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी शुक्रारा 2026-27 वर्साचें राज्य अर्थसंकल्प विधानसभेंत सादर करतना सांगलें.दीवचल, शिरगांव-मये, अडवलपाल-थिवी, आनी कुडने-कोर्लीम हांगा आशिल्ले लिलावांतले पांच ब्लॉक पयलींच सुरू जाल्यात अशें सावंत हांणी सांगलें.राज्य अर्थसंकल्पांत खण खात्या खातीर वट्ट 26 कोटी रुपयांची तजवीज केल्या अशी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दील्या.
उरिल्ले सात ब्लॉक पर्यावरण मंजुरी आनी हेर वैधानीक परवानगी घेवपाचे प्रक्रियेंत आसात अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.तशेंच सरकार चड ब्लॉक लिलाव करपा खातीर चवथी नोटीस आमंत्रण निविदा (एनआयटी) आनी ताचे खातीर ई-लिलावाचो दुसरो टप्पो सुरू करपाचे प्रक्रियेंत आसा अशी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी दील्या
Dip

मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत आनी भलायकी मंत्री  विश्वजीत राणे हांचे फुडारपणाखाला आंतरराष्ट्रीय बायलां दिसा निमतान आयज राज्यांतल्या सगळ्या सरकारी आयुष्मान आरोग्य केंद्रांनी , मुळव्या भलायकी केंद्रांनी, आनी सरकारी हॉस्पिटलांनी बायलां खातीर खाशेले भलायकी तपासणी शिबिरां घडोवन हाडल्यात.राज्यांतल्या बायलांचे भलायकेचेर आनी कल्याणाचेर खासा भर दिवपा खातीर हीं शिबिरां घडोवन हाडल्यांत. लोकांनी लागींच्या सरकारी भलायकी केंद्राक भेट दिवन ह्या शिबिराचो लाव घेवचो .

मीराबाग सावर्डे हांगाच्या न्हंयचेर बांदपाचो आशिल्ल्या बंधारो आनी पंपिंग स्टेशनाचेर लोकांक स्पश्टीकरण दिवपा खातीर 14 मार्चाक सुनावणी दवरल्या. ही माहिती उदका संसाधन खात्याचे सहाय्यक अभियंते शांताराम गावकर हाणी दिली. ह्या वेळार उदका संसाधन खात्याचे अधिकारी पॉवर पॉयंट सादरीकरण करतले अशें गांवकार हांणी सांगलें.14 मार्चाक दनपारां 3 वरांचेर सावर्डे हांगाच्या गणपती सभा मंडपांत हे सादरीकरण करतले. हाचे संबंदी म्हायती थळाव्या आमदारांक, पंच वांगड्यांक आनी गांवकारांक दिल्या.
सध्या मिराबागांत येवपी ह्या बंधाऱ्याक लोकांचो विरोध आसा आनी फाटले 23 दीस ते ह्या निर्णयाचो निशेध करपाक ताणी धरणे आंदोलन सुरू केला.

जाण ९५

गोंय विभागातल्या टपाल तक्रारी १२ मार्च मेरेन पणजेतल्या पोस्ट मास्टर जनरल कार्यालयांत सादर करच्यो अशे टपाल विभागांन मांगलां. १८ मार्चाक जावपी ६५ व्या डाक अदालतीत ह्या प्रस्नाचेर वा हरकतींचेर न्याय निवाडो जातलो अशेय ह्या कार्यालयान कळींत केलां.

ह्या डाक अदालतींत गोय राज्यासयत सांगली , कोल्हापूर , रत्नागिरी आनी सिंधुदुर्ग या महाराष्ट्रातल्या पाच जिल्ह्यांनी आशिल्ल्या टपाल विभागांचो समावेश आसा. संबंधीत टपाल अधिकाऱ्यांकडेन कागाळ दाखल करतकच स म्हयन्यांभितर ज्या कागळीचे निराकरण जावंक ना अश्यो कागाळी डाक अदालती मुखार सुनावणेंक येवंक पात्र थारतल्यो. डाक अदालतींत सादर जावपी सगळ्यो कागाळी सगळ्या तपशिला सयत धाडच्यो अशें ह्या संबंधींच्या खबरेंत म्हळां.

रवींद्र भवन सांखळी  आयोजित 2 री रामदास कामत यादस्तिक सवेश नाट्यगीत गायन सर्तीची निमाणी फेरी आयज सकाळी 10 वरांचेर साखळीच्या रविंद्र भावनात जातली. बायलांच्या गटात आर्या मणेरकर, वेदश्री बोरकर, रेखा गावस ,कामाक्षी कुलकर्णी ,संपदा घैसास ,सलोनी खांडेकर हान्चोआसपाव आसा जाल्यार दादल्यांच्या गटात दत्तगुरु केळकर, श्रवण मणेरकर, शिवम रायकर ,लवू गावस ,कृष्ण कन्हैया कालेकर आणि दीप आचार्य हान्चो आसपाव आसा .हे अंतिम फेरीक संगीत रसिकांनी वडा संकेन हजर रावचे अशें आवाहन साखळी रवींद्र भवनचे उपाध्यक्ष दत्ताराम चिमुलकर हाणीं केलां.

ओस्सय ओस्सयच्या गजरात व्हडा उमेदीन पणजेत काल  शिगमो मिरवणुक जाली. शिगम्याच्या मिरवणुकीचे उक्तावण पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांच्या हस्तुकी जाले. ह्यावेळार पणजी शिगमोत्सव समितीचे अध्यक्ष आनी नामनेचे उद्देजक श्रीनिवास धेंपो तशेंच हेर वांगडी हाजीर आशील्ले. शिगमो हो आमच्या गोंयच्या संस्कृतायेची गिरेस्तकाय दाखोवपी उत्सव अशे ह्यावेळार मंत्री रोहन खंवटे हांणी म्हणला.शिगमोत्सवाच्या परेडीत पौराणीक कथेचेर आधारीत चित्ररथ, ढोल ताश्याचे पथक, रोमटामेळाची सादरीकरणा जाली .

गोंय सरकाराच्या खेळां आनी तरणाटे वेव्हार संचालनालयान आनी युव हॉस्टेल असोसिएशन ऑफ इंडियाच्या सहकार्यान आयोजीत केल्ल्या राष्ट्रीय हिमालयन ट्रेकिंग मोहिमेक आनी प्रशिक्षण कार्यावळींत वांटो घेवपा खातीर गोंयच्या ट्रेकर्स आनी साहसी लोकांकडल्यान अर्ज मागयल्यात . हि मोहीम 17 ते 24 मे 2026 मजगत हिमाचल प्रदेशांतल्या कुल्लू जिल्ह्यांतल्या रोली खोलीत जातली . इत्सूक उमेदवारांनी खेळां आनी तरणाटे वेव्हार संचालनालयाच्या अधिकृत संकेतथळा वयल्यान थारायिल्लो अर्ज डावनलोड करूं येता वा मनोज जोशी, जोशी वाइन, बिहाइंड ओल्ड सचिवालय, पणजी गोंय हाचे कडल्यान मेळूं येता. वेवस्थीत भरलेले अर्ज, गरजेचे कागदपत्रां सयत 9 मार्च 2026 दिसा वा ताचे आदीं डीएसवाय कार्यालयांत सादर करचे.

हवामान

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान३2.८ औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २4.8 औंश  सेल्सिअस नोंद जाला.

खेळ

आयसीसी दादल्यांच्या टी-20 सवसरीक करंड क्रिकेट सर्तीच्या फायनलींत आयज सांजवेळा भारत आनी न्यूझीलंड पांगडामदीं खेळ जातलो.

आमचे फुडले खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले आयज सांजे  सात जावण 2० मिंनटाचेर इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपल्य